# नोबेल पुरस्कार माळ, भारत 2018 फेब्रुवारीत गोंयात आयोजन

ता. 11 जानेवारी 2018
21 पौष 1939

नोबेल पुरस्कार माळ, भारत 2018 चे आयोजन गोंयात ता. 1 ते 3 फेब्रुवारी 2018 मेरेन जातले. मुख्यामंत्रर श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे हस्तूकीं ता. 1 फेब्रुवारी 2018 दिसा दनपरां 3.30 वरांचेर दिनानाथ मंगेशकर कला मंदिर, कला अकादमी, कांपाल हांगा नोबेल पुरस्कार माळ, भारत 2018 चे उक्तावण जातले. केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. हर्षवर्धन आनी केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान राज्यमंत्री श्री. वाय. एस. चौधरी हेवूय उक्तावण कार्यक्रमाक हजर रावतले.

गोंयात जावपी नोबेल पुरस्कार माळ, भारत 2018 चे आयोजन बायोटॅक्नोलोजी विभाग, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालय भारत सरकार आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान संचालनालय, गोंय सरकार हांणी नोबेल मिडिया एबी, स्विडन हांच्या जोड पालवान आयोजन केला. ह्या कार्यक्रमाचो भाग म्हुण भारतीय शास्त्रज्ञांनी विज्ञानाच्या मळार केल्ल्या वावराच्या भारतीय प्रदर्शनासयत स्विडनातल्या नोबेल प्रदर्शनाचे आयोजन करतले. हे प्रदर्शन लोकांखातीर 1 ते 26 फेब्रुवारी 2018 मेरेन उक्ते आसतले. ह्या कार्यक्रमाक पाच ते स नोबेल पुरस्कार जैतवंत हजर रावपाची अपेक्षा आसा.

1 फेब्रुवारीक सांजेच्या 6.00 वरांचेर उद्देग आनी धोरण तंज्ञांखातीर चर्चासत्र जातले. 2 फेब्रुवारीक कला अकादमीत सकाळी 10.30 वरांचेर विद्यार्थ्यांखातीर आनी दनपरां 1.30 वरांचेर शिक्षकांखातीर संवाद कार्यक्रम जातलो. 3 फेब्रुवारीक राजीव गांधी कला मंदिर फोंडा हांगा सकाळी 10.30 वरांचेर नोबेल जैतवंत तांत्रिकी विद्यार्थी आनी शिक्षकांवांगडा संवाद सादतले. तशेंच त्याच दिस सकाळी 10.30 वरांचेर मडगांवच्या रविंद्र भवनात विज्ञान विद्यार्थी आनी शिक्षकांवांगडा संवाद कार्यक्रम जातलो. उपरांत 3.30 वरांचेर राष्ट्रीय समुद्र विज्ञान संस्था, दोनापावला हांगा संशोधन आनी विज्ञानीकांखातीर चर्चासत्र जातले.

नोबेल पुरस्कार जैतवंत आनी विज्ञान क्षेत्रातल्या हेर तंज्ञांक एकटाय हांडून विद्यार्थी वर्गामदी विज्ञानीक दृश्टीकोन वाडोवप तशेंच विज्ञान शिक्षणाक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या कार्यक्रमचो उद्देश आसा आनी गोंय राज्यातले विद्यार्थी, शिक्षक आनी जाणकारांक नोबेल पुरस्कार जैतवंतावांगडा संवाद सादपाची संद मेळटली.